# राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक दुर्गा पुजेची परबीं

ता. 25 सप्टेंबर 2025

राज्यपाल श्री. पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी दुर्गा पुजा उत्सवाच्या शुभप्रसंगार गोंयच्या लोकांक उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्यात.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, दुर्गा पुजा हो एक म्हत्वाचो उत्सव आसून हो उत्सव भारतभर व्हडा दबाज्यान मनोवपात येता. ह्या शुभप्रसंगार स्त्रीशक्ती, शूरताय आनी सद्‌गुणी मुर्तरूपी दुर्गामाता देवीची पुजा करतात. दुर्गा माता देवीन महिसासूर नावाच्या राक्षसाचेर जैत मेळोवन संवसारात शांतीकाय आनी सलोखो पुनर्स्थापीत केलो म्हणून दुर्गा पुजा उत्सव सद्‌गुणांनी वायट शक्तीचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक आसा.

दुर्गा पुजा उत्सव हो न्हय फकत एक कार्यक्रम, जाल्यार एक भव्य सांस्कृतीक उत्सव आसा, जो खुशालकायेच्या प्रसंगार लोकांक एकठाय हाडटा. दुर्गा पुजा उत्सव आमकां सगळ्यांक अरिश्ट आनी अन्यायाचेर मात करपाक आमच्या मदली तांक आनी प्रतिकारशक्तीची जाणीव करून दिता.

धार्मिक म्हत्वा खेरीज दुर्गा पुजा उत्सव एकजूट, सामाजीक बंधन आनी सांस्कृतीक वारशाक प्रोत्साहन दिता. ह्या उत्सवाच्या प्रसंगार कुटुंबां आनी मित्रपरिवार एकठाय येता आनी समाजांकडल्यान दयाळूपणाचे आनी दिवप-घेवप करपाचे कार्य जाता. ह्या उत्सवातल्यान जात, पात आनी पिरायेचें आडखळें पयस जातात आनी एकवठ आनी परस्पर आदराची भावना वाडिक लागता.

दुर्गा पुजा उत्सव मनयतना आमी दुर्गामाता देवीच्या शूरताय, दयाळूपण आनी न्याया खातीर झगडपाच्या खंबीर भावनेच्या मुल्यांचेर मनन करूया.

ह्या उत्सवातल्यान आमकां आमच्या स्वताच्या जीणेत हे गुण आपणावपाक आनी अदीक सलोखो आनी आसपावीत समाजाच्या दिकेन काम करपाक प्रेरणा मेळू.

प्रत्येकाक खुशालकाय आनी आशिर्वाद भरीत दुर्गा पुजेची परबीं, अशें राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/785

--

---


Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.